*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>केंद्रीय आयुष मंत्र्याच्या अध्यक्षतेखाला जिल्हा विकास समन्वय आनी देखरेख समितीची पयली बसका जाली</u>**

ता. 15 ऑक्टोबर 2019

केंद्रीय आयुष राज्यमंत्री (स्वतंत्र प्रभार) श्री. श्रीपाद नाईक हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज पणजे जिल्हा विकास समन्वय आनी देखरेख समितीची " दिशा" पयली बसका जाली. बसकेत उलयताना श्री. नाईक हांणी समितीचो उद्‌देश पूर्ण करपा खातीर केंद्र सरकारच्यो कल्याणकारी येवजणो गरजू लोकांमेरेन पावोवपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी प्रयत्न करपाची गरज उकतायली. केंद्र सरकार पुरस्कृत येवजणांच्या अंमलबजावणी प्रक्रियेत थळाव्यां लोकप्रतिनिधीक आसपावन घेवपाची गरज आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

केंद्र सरकारच्या कल्याणकारी येवजणांच्या अंमलबजावणीचे काम करपी राज्य सरकारची यंत्रणां बरे तरेन काम करतात अशें सांगून तांणी केंद्र सरकार पुरस्कृत येवजणों गरजू लोकांमेरेन पावोवन तांकां तांचो फायदो मेळोवन दिवपा खातीर समितीच्या वांगड्यांनी आनी संबंदीत यंत्रणांनी प्रामाणिक प्रयत्न करपाक सांगलें. समाजातल्या सामान्य लोकांक कल्याणकारी येवजणांचो फायदो जावचो आनी समितीचो उद्‌देश पुर्ण करपा खातीर वांगड्यांनी प्रयत्न करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगलें.

उत्तर गोंय जिल्ल्याधिकारी श्रीमती आर. मेनका हांणी वेगवेगळ्यां सरकारी खात्याकडल्यान अंमलबजावणी करपात येवपी केंद्र सरकार पुरस्कृत येवजणांच्या अंमलबजावणीच्या प्रगतीचो नियाळ घेवप आनी फुडले उद्‌दिश्ट थारावप तशेंच वेगवेगळ्यां खात्यांमदीं समन्वय घडोवन हाडपा खातीर भासाभास करप हो बसकेचो भाग आशिल्ल्याचे सांगलें.

केंद्र सरकारच्या कल्याणकारी येवजणांच्या अंमलबजावणीचे काम करपी राज्य सरकारी यंत्रणांच्या अधिकाऱ्यांनी येवजणांच्या अंमलबजावणी प्रगतीची म्हायती दिली.

जिल्हा ग्रामीण उदरगत यंत्रणेचे संचालक श्री. संजीत रॉड्रिग्स हांणीय बसकेच्या चर्चेत वाटो घेतलो.

बसकेक पणजीचे महापौर श्री. उदय मडकईकर आनी वेगवेगळ्यां खात्यांचे अधिकारी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/702

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.

THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA